**Panaji National 10th May 2025 8.40am**

- भारतीय सैन्यान जम्मू लागसार पाकिस्तानी चौकी आनी आतंकवादी लाँच पॅड नश्ट केल्यात. हांगाच्यान ट्यूब लाँच ड्रोनन सोडटाले.

- हाचेभायर भारतीय सैन्यान पाकिस्ताना लागसार आशिल्ले आंतरराश्ट्रीय शिमेचेर आनी नियंत्रण रेशेचेर बारामुल्ला ते भुज मेरेनच्या 26 सुवातींनी ड्रोन हल्ले नाकाम केले.

- भारतीय विमानतळ प्राधिकरणान ह्या म्हयन्याच्या 15 तारखे मेरेन सगल्या नागरी उड्डाणां खातीर उत्तर आनी अस्तंत भारतांतले 32 विमानतळ तात्पुरते बंद करपाची घोशणा केल्या.

- शीमे पलतडच्या आतंकवादा खातीर पाकिस्तानान आयएमएफ रिण निधीचो गैरवापर केल्याचो आरोप भारतान केला.

- भारत-न्यूझीलंड मुक्त वेपार करार म्हळ्यार (**FTA**) खातीरच्या वाटाघाटीची पयली फेरी काल नवी दिल्लींत येसस्वीपणान सोंपली.

**REV. DRONES PAKISTAN - 160**

भारतीय सैन्यान जम्मू लागसार पाकिस्तानी चौकी आनी आतंकवादी लाँच पॅड नश्ट केल्यात. हांगाच्यान ट्यूब लाँच ड्रोनन सोडटाले.

हाचेभायर भारतीय सैन्यान पाकिस्तानाकडेन आशिल्ले आंतरराश्ट्रीय शिमेचेर आनी नियंत्रण रेशेचेर बारामुल्ला ते भुज मेरेनच्या 26 सुवातींनी ड्रोन हल्ले नाकाम केले. तातूंत ड्रोनांचो आस्पाव जाता, जाका लागून निवासी आनी लश्करी सुवातींक धोको निर्माण जावंक शकता. संरक्षण सुत्रां प्रमाण ह्या सुवातींनी बारामुल्ला, श्रीनगर, अवंतीपुरा, नाग्रोटा, जम्मू, फिरोजपूर, पठानकोट, फाझिलका, लालगढ जट्टा, जैसलमेर, बार्मेर, भुज, कुआरबेट आनी लखी नाला हांचो आस्पाव जाता. सशस्त्र ड्रोनांनी पंजाबांतल्या फिरोजपूर, अमृतसर, पठाणकोट ह्या शिमेवयल्या जिल्ह्यांचेर हल्लो

करपाचो यत्न केलो, पूण भारतीय संरक्षण दळांनी हे यत्न येसस्वीपणान निश्क्रीय केले. पूण फिरोजपूरांत एका घराक लुकसाण जालें, आनी ह्या हल्ल्याक लागून कुटुंबांतले तीन जाण जखमी जाले. तांकां सरकारी हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात आनी ते सुरक्षीत आशिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळ्या. फिरोजपूर पुलीस मुखेली भूपिंदर सिंग सिद्धू हांच्या मतान ही एक एकसुरे घडणूक आशिल्ली, चडशा हल्ल्यांक सैन्यान प्रभावीपणान तोंड दिला.

मजगतीं, भारतीय सशस्त्र दळां सध्याच्या परिस्थिती विशीं माहिती दिवपाक सकाळीं 10 वरांचेर राष्ट्रीय राजधानींत खाशेली मिडिया ब्रीफिंग घेवपाची आसा.

**AAI- AIRPORT CLOSURE - 85**

भारतीय विमानतळ प्राधिकरणान ह्या म्हयन्याच्या 15 तारखे मेरेन सगल्या नागरी उड्डाणां खातीर उत्तर आनी अस्तंत भारतांतले 32 विमानतळ तात्पुरते बंद करपाची घोशणा केल्या. ह्या विमानतळां मदीं अमृतसर, चंडीगढ, जम्मू, श्रीनगर, भुज, जामनगर, जैसलमेर, पठाणकोट आनी हेर विमानतळांचो आस्पाव जाता. ते भायर दिल्ली आनी मुंबय विमान म्हायती क्षेत्रातले हवाई येरादारी सेवा (एटीएस) मार्गांचे 25 विभागय ह्या काळांत बंद उरतले. विमान कंपन्यांक उण्यांत उणें व्यत्यय येवपा खातीर पर्यायी मार्गांची येवजण आखपाचो सल्लो दिला. तात्पुरतें बंदी परिचालन कारणांक लागून आसा आनी सुरक्षितता सुनिश्चित करपा खातीर संबंदीत अधिकाऱ्यां कडेन समन्वयान हाजे प्रबंधन करतले.

**PM Three services – 140**

भारत आणि पाकिस्तान मजगतीच्या वाढत्या तणावाच्या फाटभुयेर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल नवी दिल्लीत लष्कर, हवाई दल आणि नौदल या तिनूय दलांच्या प्रमुखां बरोबर उंचेल्या पावडया वेल्या बसकेची येजमानकी चलयली. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हेय बसकेंत हाजीर आशिल्ले.

प्रधानमंत्र्यांनी काल सशस्त्र दलातल्या आदल्या सैनिकांच्या गटाचीय भेट घेतली. तातूंत आदले हवाई दल प्रमुख, लष्कर प्रमुख, नौदल प्रमुख आनी हेर दिग्गजांचो आस्पाव आशिल्लो. मोदी हांणी सध्याचे परिस्थितीचेर तांचे बरोबर विस्तृत संवाद सादलो, अशे सूत्रांनी सांगले.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांच्या अध्यक्षतेखाला काल नवी दिल्लींत अस्तंत शिमे वेली सुरक्षा परिस्थितीचो आनी भारतीय सशस्त्र दळांची परिचालन तयारी हांचेर नियाळ घेवपा खातीर उंचेल्या पांवड्यावेली बसका जाली. हे बसकेंत प्रमुख रक्षा अध्यक्ष, तिनूय दलांचे प्रमुख आणि संरक्षण सचिव उपस्थित आशिल्ले. गृहमंत्री अमित शाह हाणी शिम सुरक्षा दळ, केंद्रीय उद्देगीक सुरक्षा दळ आनी नागरी विमान वाहतूक सुरक्षा ब्युरो हांचे महासंचालकां बरोबर बसका घेतली.

**Chauhan – 40**

देशांत पुरेसो अन्नधान्याचो सांठो उपलब्ध आसा अशें कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. खंयचेय आपत्कालीन परिस्थितींत नागरिकांक शांत रावपाचो आवाहन चौहान हांणी केला. धान्यांचें विक्रमी उत्पादन जालां आनी येवपी पिकां खातीरय अनुकूल परिस्थिती आसा अशें तांणी सांगलें.

**IMF India – 130**

पाकिस्तान खातीर नव्या बेलआउट पॅकेजचेर विचार करपी, आंतरराष्ट्रीय नाणेनिधी (IMF) च्या बोर्डाच्या बसकेंत, भारत मतदानापासून पयस रावलो. तशेंच पाकिस्तानाचो वायट ट्रॅक रेकॉर्ड पळयल्यार पाकिस्तानाच्या बाबतींत आयएमएफच्या कार्यावळींच्या कार्यक्षमताय विशीं भारतान हुस्को उक्तायलो, आनी तशेंच राज्य पुरस्कृत शिमे पलतडच्या आतंकवादाखातीर रिण वित्तपुरवण निधीचो गैरवापर जावपाची शक्यताय आसा हाजे विशी चिंता उक्तायली. आयएमएफान काल एक अब्ज डॉलर विस्तारीत निधी सुविधा रीण कार्यावळीचो नियाळ घेतलो आनी पाकिस्ताना खातीर 1.3 अब्ज डॉलराच्या नव्या लवचिक आनी स्थिरताय सुविधा रीण कार्यावळीचोय विचार केला.

बसकेंतल्या निवेदनात भारतान अशे निदर्शनाक हाडलें की, सीमापार दहशतवादाक सतत पाठिंबा दिवप जागतिक समुदायाक धोकादायक संदेश दिता, निधी दिवपी संस्था आणि दात्यांच्या प्रतिष्ठेक धोको निर्माण करता आणि जागतिक मूल्यांची फकाणां करता. पाकिस्तान दीर्घकाळा सावन आयएमएफां कडल्यान रीण घेवपी देश जावन आसा, ताचो अंमलबजावणी करपाचो आनी आयएमएफच्या कार्यावळीच्या अटींक पाळो दिवपाचो इतिहास खूब वायट आसा.

**INDIA - NEW ZEALAND FTA - 90**

द्विपक्षीय वेपार आनी गुंतवणूक भागीदारी वाडोवपाच्या दिकेन एक महत्वाचे पावल म्हळ्यार, भारत-न्यूझीलंड मुक्त वेपार करार म्हळ्यार (**FTA**) खातीरच्या वाटाघाटीची पयली फेरी काल नवी दिल्लींत येसस्वीपणान सोंपली. वाणिज्य आणि उद्योग मंत्रालयान सांगले की, पयल्या फेरयेंत दोनूय भागीदारांमदि आभासी चर्चेची माळ जाली ज्याने प्रत्यक्ष बसकेखातीर पाया रचला. मंत्रालयान सांगलें, माल आनी सेवांचो वेपार, वेपार सुलभताय आनी अर्थीक सहकार्याच्या परस्पर फायदेशीर क्षेत्रां सयत एफटीएच्या सगळ्या वाठारांनी रचनात्मक वाटाघाटी जाली. ह्या करारातल्यान दोनूय भागीदार परस्पर फायदेशीर, संतुलित आणि निष्पक्ष व्यापार करार तयार करपाखातीर कितले धोरणात्मक महत्त्व दितात ते अधोरेखित जाता. फुडली फेरी अंदूं जुलयांत जातली. **Nirmala –100**

केंद्रीय अर्थ आनी कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्री निर्मला सीतारमण हांणी काल सगळ्या बँकांक पुरायपणान सादूर रावपाक आनी खंयचेय घडणुकेक वा संकश्टाक तोंड दिवपाक तयार रावपाचे निर्देश दिले. भौशीक आनी खाजगी क्षेत्रांतल्या बँको आनी विमो कंपनींच्या वेवस्थापकीय संचालक आनी मुखेल कार्यकारी अधिकाऱ्यां बरोबर जाल्ले बसकेंत अर्थमंत्र्यांनी आव्हानात्मक काळांत अर्थीक स्थिरताय सुनिश्चीत करपा खातीर बँकींग आनी अर्थीक क्षेत्राची म्हत्वाची भुमिका आसा हाचेर भर दिलो. नागरिकांक आनी वेवसायांक खंयचेच परिस्थितींत त्रास जावचो न्हय हाची खात्री करपाक बँकांक सांगलें. तशेंच एटीएमांत अखंड रोख उपलब्धताय, सुरळीत यूपीआय

आनी इंटरनॅट बँकिंग सेवा, आनी गरजेच्यो बँकींग सुविधा सुनिश्चीत करपाक प्राधान्य दिवचें अशें निर्देश तांणी दिले.

**Vaishnaw – 70**

भारत आनी पाकिस्तान हांचे मदल्या तणावाच्या फाटभुयेर रेल्वे येरादारी खातीर केल्ल्या वेवस्थेचो काल रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी नियाळ घेतलो. परिस्थितीचो नियाळ घेतले उपरांत वैष्णव हाणी रेल्वे अधिकाऱ्यांक वेगवेगळ्या सरकारी संस्थां कडेन समन्वय सादून शिमेच्या वाठारांतल्या लोकांक मजत करपा खातीर ट्रेनि चलोवपाचे निर्देश दिले. नियमित रेल्वे बरोबरूच गरजे प्रमाण खाशेली रेल्वेय चालीक लावपाक जाय अशें तांणी सांगलें. रेल्वे मंत्री हांच्या सुचोवण्यां प्रमाण काल जम्मू-उधमपूर सावन चार खाशेलीं गाडयो चलयल्यो.

**IMD – 70**

भारतीय हवामान खात्यान (**IMD**) आज वायव्य, मध्य आणि पूर्व भारतात वादळी वारे आणि विजांसयत वादळी पावस पडपाची शक्यता उक्तायल्या. ईशान्य भारतांत आयज अरुणाचल प्रदेशात आनी फाल्यां आसाम, मेघालय, मणिपूर, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास आसा. हवामान खात्यान बिहार, झारखंड, केरळात उष्ण आणि दमट हवामानाचा अंदाज उक्तायला. बिहार, झारखंड, केरळ, माहे, त्रिपुरा आनी ओडिशा हांगा उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती आसूं येता अशें हवामान खात्यान सांगलां.

**SAFF – 25**

अरुणाचल प्रदेशांतल्या युपिया हांगाच्या गोल्डन जुबली स्टेडियमांत काल जाल्ल्या SAFF फुटबॉल चॅम्पियनशिपच्या पयल्या मॅचींत भारतीय दादल्यांच्या 19 वर्सां सकयल्या फुटबॉल पंगडान श्रीलंकेचेर 8-0 अशी मात केली